**<u>पणजेच्या तंत्रनिकेतनांत वॅल्डिंग, फॅब्रीकेशन, एसी, रॅफ्रीजरेशन अभ्यासक्रम</u>**

पणजीः ता. 15 ऑक्टोंबर 2018

आश्विन 23, 1940

आठवी यत्ता उत्तीर्ण विद्यार्थ्यां खातीर रोजगाराच्यो संदी निर्माण करपा खातीर पणजीच्या सरकारी तंत्रनिकेतना वतीन सामाजीक विकास कार्यक्रमा खाला वॅल्डींग, फॅब्रीकेशन, एसी आनी रॅफ्रीजरेशन अशा तांत्रिकी क्षेत्रांत 3 ते 6 म्हयन्याचे अल्प मुजत अभ्यासक्रम आयोजीत करपांत येतले. हे बिनशुल्क अभ्यासक्रम केंद्रीय कुशळताय विकास आनी उद्देजकता मंत्रालयाच्या येवजणे खाला पुरस्कृत केल्यात.

वॅल्डिंग आनी फॅब्रीकेशन अभ्यासक्रमांक 20 नोव्हेंबर 2018 सावन सुरवात जातली. इत्सुकांनी 31 ऑक्टोबर 2018 मेरेन अर्ज करचे. एसी आनी रॅफ्रिजरेशन अभ्यासक्रमांक 20 ऑक्टोबर 2018 सावन सुरवात जातली. इत्सुकांनी 19 ऑक्टोबर 2018 मेरेन अर्ज करचे. विहीत नमुन्यांतले अर्ज सामाजीक विभाग, सरकारी तंत्रनिकेतन पणजी हांगा उपलब्ध आसात.

**मा/वाप/टीएसएस/विगां/सुना/2018/1656**